**आदिवासी समाजाच्या विकासाखातीर राज्य सरकारावतीन जावपी प्रयत्नांची राष्ट्रपती कडल्यान तोखणाय**

ता. 24 ऑगस्ट 2023

भारताच्यो राष्ट्रपती श्रीमती द्रौपदी मुर्मू हांणी गोंय राज्यातल्या आदिवासी समाजाच्या विकासाखातीर राज्य सरकारान सुरू केल्ल्या प्रयत्नांची तोखणाय केली. राष्ट्रपतीन आयज राजभवनात गोंयचे राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई, मुख्यमंत्री, डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या उपस्थितीत गोंयच्या आदिवासी समाजातल्या वांगड्यांकडेन संवाद साधलो.

गोंय हे घडये देशातले एकमेव अशें राज्य आसतले जंय मुख्यमंत्र्यांकडेन आदिवासी खात्याचो ताबो आसा आनी हे पळयत जाल्यार गोंयचो आदिवासी समाज जीवनमान सुधारण्याच्या बाबतीत आनी तांका देशाच्या मुख्य प्रवाहात हाडपाखातीर केन्नाच फाटी उरचे ना, असो विश्वास राष्ट्रपतीन व्यक्त केलो.

आदिवासी समाजान स्वताक उणाक समजूचे न्हय. आदिवासी समाज हो आपली रानां, उदकास्त्रोतां आनी भूंयेची राखण करता. विविध राज्यांतल्या आदिवासींकडेन संवाद साधतना आयिल्लो अणभव सांगताना राष्ट्रपतीन गोंयचो आदिवासी समाज दोन पावलां फुडें आशिल्ल्याचें पळोवन समाधान व्यक्त केले. हेर राज्यांपरस गोंयचो आदिवासी समाज सुशिक्षीत आसा आनी समाजात दोतोर, वकील आनी वेवसायीकांचो आकडो मोठो आसा, अशें राष्ट्रपतीन सांगलें.

आदिवासी समाज हो हेर समाजा परस खूप वेगळो आसा. आदिवासी समाज एकटाय रावपाचेर विश्वास दवरता. ही मूल्यां आमी ह्या समाजा कडल्यान घेवपाची गरज आसा. राष्ट्रपतीन आदिवासी समाजाक देशाच्या मुख्य प्रवाहात येवन देशाच्या उन्नतीखातीर आनी कल्याणा खातीर योगदान दिवपाचो सल्लो दिलो.

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आपल्या येवकाराच्या उलोवपात आदिवासी समाजाच्या उन्नतीखातीर राज्य सरकार सातत्यान काम करता अशें सांगून आदिवासी कल्याण खात्यावतीन सुमार 17 येवजणांची अंमलबजावणी करपात येता, अशें सांगलें. वन हक्क अधिनियम, 2006 खाला सरकारान 1221 परस चड लावधारकांक जमनीच्यो सनद दिल्ल्याचे मुख्यमंत्र्यान सांगलें. गोंय आदिवासी संशोधन संस्थेत आदिवासी फुडारी बिरसा मुंडा हांचो पुतळो उबारपाचे उतर मुख्यमंत्र्यान ह्या वेळार दिले.

रांगोळी कलाकार श्री आकाश नाईक हांणी तयार केल्लो राष्ट्रपतीचो पोर्ट्रेट मुख्यमंत्र्यां हस्तुकीं राष्ट्रपतींक भेटयलो.

ह्या वेळार गोंय विधानसभेचे सभापती श्री. रमेश तवडकर, समाजकल्याण मंत्री श्री. सुभाष फळदेसाय, आदले उपमुख्यमंत्री श्री.चंद्रकांत कवळेकर आनी आदिवासी कल्याण खात्याचे अधिकारी उपस्थित आशिल्लें.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/664

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.